**<u>मुख्यमंत्र्याकडल्यान गोंयच्या लोकांक नातलांची परबीं</u>**

ता. 24 डिसेंबर 2021

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंयच्या लोकांक मनाकाळजातल्यान नातलाची परबीं आनी शुभकामना भेटयल्या.

मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा, नातला हो येशू क्रिस्ताच्या जल्माचो मोग, उत्साह आनी आनंदाचो सण. हो सण आमकां एकामेकाप्रती दया, करूणा दाखोवपाचो उगडास करून दिता.

प्रत्येक वर्सा संवसारभर नातलांची परब धार्मिक उत्साह, उमेद आनी भक्तिभावान मनयतात. ह्या शुभ दिसा आमी जेजू ख्रिस्ताचो जल्म दीस मनयतात, जांणी आमकां शांतीकाय, सहिष्णूता, दया, मोग आनी त्यागाचो म्हत्वाचो इश्वरी संदेश दिलो. जेजू ख्रिस्ताच्या शिकवणीचो संदेश वृध्दीगत करपाक नातलांची परब योग्य प्रसंग आसा.

नातलांच्या प्रसंगार समस्त लोक एकवठान एकामेकाप्रती मोग दाखयतात. नातलांची परब नव्या संकल्पाक आनी विचारांक येवकार दिवपाचो प्रसंग. ह्या प्रसंगार आमी शांतीकाय आनी एकजूट राखून राज्याच्या उदरगतीचो संकल्प करूया, अशें मुख्यमंत्री म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/1081

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji